गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस,ब्लॉक 'सी' 1लो माळो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय-403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

**जायरात क्रमांक 12, वर्स 2019**

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 27.12.2019 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांनी" नमुद केल्ल्या प्रमाणें मुलाखतीक आपोवंक, आयोग उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. गोंय वैजकी महाविद्यालय

**1. ऍन्टी रॅट्रोवायरल चिकित्सा केंद्रा खातीरवैजकी अधिकारी ( Medical Officer for Anti Retroviral Therapy Centre) .....1 पद**

**वेतन श्रेणी:** रू.15,600-39,100+5,400/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

**पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ /संस्थेंतल्यान वैजकी बॅचलर आनी चिकित्सक बॅचलर (M.B.B.S) (ii) राष्ट्रीय एड्स नियंत्रण संघटणेंत नियुक्त केल्ल्या प्रशिक्षण केंद्रांतल्यान राष्ट्रीय एड्स नियंत्रण संघटणे (N.A.C.O) वतीन प्रशिक्षीत आसप गरजेचें (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– मराठीचें गिन्यान.

## II. शिक्षण संचालनालय

**2. सहाय्यक शिक्षण संचालक(Assistant Director of Education) .......1 पद**

**वेतन श्रेणी** :रू.15,600-39,100+7,600/-(पूर्व-सुदारीत)(सुदारीत वेतन मॅट्रीक्स टप्पो 12 प्रमाणें)

पिराय-45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यकः (i)** मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान उण्यांत उणी द्वितीय श्रेणीची मास्टर्स पदवी वा तत्सम.**(ii)** मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान शिकोवप / शिक्षणाची पदवी वा तत्सम. **(iii)** खंयचेय शाळेंत / उच्च माध्यमीक शाळेंत वा शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेंत जापसालदार प्रशासकी पदाचेर उण्यांत उणो 3 वर्सांचो अणभव आसपावीत आशिल्लो, एकूण 10 वर्सांचो अणभव **(iv)** कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः-** i) मराठीचें गिन्यान. **ii)** उच्च माध्यमीक शाळेच्या प्राचार्य पदाचो अणभव.

**<u>III. उच्च शिक्षण संचालनालय</u>**

**3. राज्य उच्च शिक्षण मंडळा खातीर शिक्षण,अध्ययन आनी शिक्षणीक तंत्रज्ञानांत प्राध्यापक (Professor for Teaching, Learning and Educational Technology for State Higher Education Council) .......1 पद ( दुसरे फावटी)**

**वेतन श्रेणी** : टप्पो 14(विद्यापीठ अनुदान आयोगान प्रतिमान केल्ले प्रमाणें)

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रतायः-**

**आवश्यकः** (i) उच्च दर्जाचें प्रकाशीत काम आनी शिक्षण /माहिती तंत्रज्ञान /संगणकीय शास्त्र/इलेक्ट्रॉनिक्स संबंदीत विशयांत पीएच.डी. पदवी आशिल्लो नामनेचो विद्वान आसूंक जाय, प्रकाशीत जाल्ल्या वावराचो पुरावो म्हूण पुस्तक रुपान उण्यांत उणी 10 प्रकाशनां /वा संशोधन/धोरणात्मक प्रपत्रां सयत संशोधनांत सक्रियतायेन वांटेकार आसूंक जाय. (ii) विद्यापीठ/ महाविद्यालयांत उण्यांत उणो 10 वर्सां शिकोवपाचो अणभव आनी /वा विद्यापीठ /राष्ट्रीय पांवड्या वेल्या संस्थांनी /उद्देगांनी, डॉक्टरेट पांवड्यार संशोधन करपी उमेदवाराचो मार्गदर्शक म्हूण अणभवा सयत संशोधनांत अणभव. (iii) नव्या शिक्षणक्रमाचें आनी अभ्यासक्रमाचें वेळापत्रक तयार करपाक, आनी तंत्रज्ञान-मध्यस्त शिक्षण अध्ययन प्रक्रियेंत शिक्षणीक नवसर्जनाक योगदान आसूंक जाय. (iv) एसएसए-6 च्या I ते IX तकट्यांत थारायल्ले प्रमाणें, शिक्षणीक कामगिरी दर्शन (एपीआय) आदारीत कामगिरी मुल्यांकन पध्दतींत (पीबीएएस) निर्धारीत केल्ले उण्यांत उणे गूण मेळोवंक जाय. (v) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.